गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय

पत्रक

**वीज मंत्र्याहस्तुकीं भलायकी शिबिराचे उक्तावण**

ता. 26 नोव्हेंबर 2018
5 मार्गशीर्ष 1940

वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी काल कुडचडयावयल्या सर्वोदय एज्यूकेशन संस्थेच्या हायस्कूलात भलायकी सेवा संचालनालय, गोंय वैजकीय महाविद्यालय, दंत महाविद्यालय आनी कुडचडे-काकोडा नगरपालिकेच्या सहकार्यान आयोजित केल्ल्या मेगा हेल्थ शिबिराचे उक्तावण केले.

स्त्रीरोगतज्ञ, पेडियाट्रीक, सर्जरी, ईएनटी, ओपथाल्मिक, ऑर्थपिडीक, डेन्टल, स्कीन, मेडीसीन, ईसीजी, आयूष, गॅस्ट्रोलॉजी, कार्डिओलॉजी आनी हेर तज्ञ डॉक्टरांनी शिबिरात दुयेंतीची तपासणी केली.

कुडचडे-काकोडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. फेलीक्स फर्नांडिस, भलायकी सेवा संचालक, डॉ. संजीव दळवी, सामाजिक भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी डॉ. मोहनराव देसाय आनी हेर अधिकारी हया वेळार हजर आशिल्ले.

हया वेळार उलयताना श्री. काब्राल हांणी कुडचडे आनी सरभोवतणच्या वाठारांतल्या लोकांक खास तज्ञ डॉक्टरांची सेवा उपलब्ध करपाच्या उद्देशान हया भलायकी शिबिराचे आयोजन केल्ल्याचे सांगून लोकांनी आपली भलायकी बरी दवरपाखातीर नेमान डॉक्टरांच्या सल्ल्यान उपचार करून घेवपाक सांगले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1763